# राज्यपालांची लोकविश्वास प्रतिशठान संस्थेक भेट

ता. 5 नोव्हेंबर 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज लोकविश्वास प्रतिशठान संस्थेवतीन चलोवपात येवपी ढवळी फोंडेंच्या शांतादुर्गा कृपाश्रमाक भेट दिली आनी संस्थेक आनी डायलिसिस दुयेंतींक अर्थीक मजत भेटयली.

ह्या वेळार उलयताना राज्यपालान आमी मानवतेच्या कल्याणाखातीर सेवा करपाची गरज उक्तायली. अनेक गरीब लोक गंभीर दुयेंसांनी त्रस्त आसात आनी अशां दुयेंसांवयलें उपचार तांच्या हातांभायलें आसतात, ते खातीर मानवतेच्या दृश्टीन तांकां मजत करपाची गरज आसा. गोंयांसारखी राज्यां अशा लोकांची काळजी घेवपा खातीर बरे काम करता, अशें तांणी म्हणलें.

राज्यपालान लोकविश्वास प्रतिशठान संस्थेवतीन अनाथ आनी कमनशिबी भुरग्यांचे पालनपोशण आनी तांकां आवश्यक शिक्षण आनी कुशळटाय दिवन आत्मनिर्भर करपा खातीर आनी समाजाच्या मुखेल प्रवाहात हाडपाखातीर करपात येवपी वावराची तोखणाय केली.

आमदार श्री. सुदीन ढवळीकर हांणी लोकविश्वास प्रतिशठान संस्थेवतीन आश्रमातल्या भुरग्यांखातीर रोबोवपात येवपी उपक्रमांची तोखणाय करून संस्थेच्या कल्याणकारी आनी मानवतेच्या कार्याक योगदान दिवपी लोकांचे अभिनंदन केले. तशेंच तांणी शांतादुर्गा कृपाश्रमाक भेट दिल्लेखातीर राज्यपालांचे उपकार मानलें.

ह्या वेळार राज्यपालांक संस्थेवतीन भुरग्यांचे पुर्नवसन, शिक्षण, प्रशिक्षण आनी पालनपोशणा खातीर करपात येवपी कार्याची म्हायती करून दिली.

लोकविश्वास प्रतिशठानचे अध्यक्ष श्री. अनुप प्रियोळकर, उपाध्यक्ष राज वैद्य, ट्रस्टी सागर साकोर्डेकर, राज्यपालांचे सचीव आर, मिहिर वर्धन, दक्षिण गोंयचे अतिरिक्त जिल्हाधिकारी संजीत रॉड्रिग्स, अजीत पंचवाडकर, गोंय मनीसबळ विकास म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक नारायण नावती, राज्यपालांचे एडीसी विश्राम बोरकर आनी संस्थेचे वांगडी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

तन्वी कामत हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. राज वैद्य हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/922

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji